# राजभवनार आयोजीत कार्यक्रमात राज्यपाला हस्तुकीं डायलिसीस दुयेंतींक अर्थीक मजत भेटयली

2 डिसेंबर 2023

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी काल राजभवनार आयोजीत कार्यक्रमात डायलिसीस दुयेंतींक अर्थीक मजत भेटयली. राजभवनान काल नागालॅण्ड आनी आसाम राज्यांच्या स्थापणूक दिसाच्या फाटभुंयेर खास कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले.

गोंय विधानसभेचे उपसभापती श्री. जोशुआ डिसौझा, राज्यपालाचे सचीव श्री. एम. आर. एम. राव, आसाम सोसायटी गोवाचे अध्यक्ष श्री. दिपक मेणी ह्या कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना राज्यपालान अशां कार्यक्रमातल्यान विंगड विंगड राज्यांतल्या कला आनी संस्कृतीक प्रोत्साहन मेळटा आनी राज्यांतल्या लोकांमदले संबंध मजबूत जाता, अशें सांगलें.

उपसभापती श्री. जोशुआ डिसौझा हांणी राजभवनावतीन राज्यांतल्या गरीब आनी गरजू लोकांक मजत करपा खातीर विविध येवजणांची अंमलबजावणी केल्ले खातीर राज्यपालांच्या वावराची तोखणाय केली.

आसाम सोसायटी गोवाचे अध्यक्ष श्री. दिपक मेणी हांचेय ह्या वेळार उलवप जालें. श्री. एम. आर. एम. राव हांणी सुरवातीत मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री संदेश गडकरी हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/922

Issued by the

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.